चेतन आनी परी

अलका सिनाय असोळडेकार



चेतन आनी परी

अलका सिनाय असोळडेकार

बिम्ब
प्रकाशन

चेतन आनी परी
अलका सिनाय असोळडेकार
(बालसाहित्य)

Chetan Aani Pari
by
Alka Sinai Asoldekar
(Children's Stories)

प्रकाशन क्र. ८६

© अलका सिनाय असोळडेकार

पयली आवृत्ती
मार्च २०१२
छापणावळ
इम्प्रेशन्स
बी-२, 'अक्षर आर्केड'
३३६०/४, गोंधळी गल्ली,
बेळगांव - ५९० ००२
अक्षर जुळणी
बिम्ब प्रकाशन
मुखचित्र आनी रेखाटन
गिरीश नंदा बोरकार
प्रकाशक
कामिनी किणी
'धर्म-लक्ष्मी',
सांत लॉरेन्स,
आगशे - गोंय ४०३ २०४.

मोल ₹५०/-

ह्या अनवळखवी जगाची म्हाका
वळख करून दिली
तशेंच आपल्या अपुर्बायेच्या
बाब गुणू म्हळ्यार
म्हजो पूत (चेतनाक)
आपले परीन काणयो सांगून
ताकाय आपली ओड लायली
तो म्हजो बापूय
सर्गेस्त सूर्या सीताराम सिनाय लाड
हांका म्हजें हें पुस्तक ओपतां...

- अलका

मांडावळ

१. दोतोर कोलेदाद



एका गांवांत एक हरीश नांवाचो चलो रावतालो. ताका घरा येतकीच गोफणींत फातोर घालून सवण्यांक जावं जनावरांक मारपाची संवय आशिल्ली.

एक दीस दिवाळेची सुटी आशिल्ल्यान हरीश काणकोणा आपल्या मामागेर गेल्लो. थंय ताणें खूब जनावरां पळयलीं. तांकां पळयतकीच ताणें गोफणींत फातोर घालो आनी गोफीण ओडली. तो नेम जुस्त सोशाक लागलो आनी तो सोसो जखमी जावन वळवळत सकयल पडलो.

लागसारच मोर उमेदीन आपलो पिसारो फुलोवन नाचतालो. इतल्यान ताणें सोशाक वळवळत पडला तो पळयलो. मोरान आपल्या पाखांनीं ताका सांसपून पळयलो आनी तो जखमी जाला म्हणून ताका कळ्ळें. मोरान रोखड्या रोखडें चोंचींतल्यान ताचेर उदक शिंपडायलें. सोशान मात्शें आपलें आंग हालयलें. मोरान अपुरबायेन आपलो पिसारो ताचे वयल्यान भोंवडायलो आनी म्हळें ''कितें जालें तुका?'' सोशान म्हळें,

"म्हाका कोणेंतरी गोफणीन फातोर मारला तो म्हज्यान सोंसूंक नज. मात्शी म्हजी दूख कमी करशीत जाल्यार बरें जातलें."

मोरान म्हळें, "तूं कांयच भियेवं नाका. म्हजो एक इश्ट आसा. दोतोर कोलेदाद. ताचे म्हन्यांत तुका व्हरतां." अशें म्हणून मोरान सोंशाक ल्हवल्हव करून दोतोर कोलेदादाकडेन व्हेलो.

कोलेदादान वक्ल माथ्याक लायिल्लें आनी कानाक स्थेतोस्कोप लायिल्लो. कोलेदादान सोंशाक बसयलो. वक्ल आपल्या दोळ्यांक लायलें आनी सोंशाक बरेंभशेन तपासलो आनी ताचेर वखद लायनासतना उपाय करपाक जाता अशें सांगलें.

मोरान म्हळें, 'कोलेदाद असलो कसलो उपाय सायबा!"

कोलेदादान वक्ल परतें वयर काडलें आनी सांगलें, "हांगा लागसारच कासवदादाचें तळें आसा. थंय ताका घेवन वच. थंय लागींच एक फोंड मारून दवरिल्लो आसा तातूंत कासवान उदक घालून दवरलां. तातूंत सोंशाक सुमार एक वर बसय. पूण एक, म्हज्या उपचाराचे पयशे दिवंचे पडटले."

मोरान म्हळें, "ताची चिंता तूं करूं नाका. पयशांचें हांव पळोवन घेतां."

मागीर मोर सोंशाक घेवन गेलो आनी सोंशाक त्या उदकांत न्हिदयलो. कांय वेळान सोंशाक न्हीद लागली. ताका न्हीद लागल्या ती पळोवन मोरान ताका थंयच सोडलो आनी कळपांत वचून परतो नाचपाक लागलो. तेवटेन सोंशाक बरेंऽऽ दिसलें आनी टणटणीत जावन तो थंयच्यान गेलो. ताका गोफणीन मारिल्लो तो फातोर मातयेचो आशिल्ल्यान आनी ताका उदकांत न्हिदयल्ल्यान तो मातयेचो फातर मोव जावन भायर सरून गेलो. वाटे वयल्यान वतां वतां ताका दोतोर कोलेदाद दिश्टी पडलो. ताणें सोंशाक म्हळें, "सोंशेदाद, म्हगेली फी दिता मरे?" त्या उतराक ताणें म्हळें, "हांव पयलीं बरो नाशिल्लों. हांवें तुका खंय पयशे दिता म्हूण सांगिल्लें? तुवें मोरा कडल्यान फी घेतल्यार बरी." सोंशान परत म्हळें, "एक सांग रे



तो कसलो उपचार जातूंत कसलेंच वखद तुका लावचें पडलें ना?''

कोलेदादाक खूब वायट दिसलें आनी तो मोरा म्हऱ्यांत गेलो आनी ताका ही खबर सांगली. ताणें मोराक म्हळें, ''आतां पयशे तुवेंच दिवचे पडटले. तूंच ताका जापसालदार.'' त्या उतराक मोरान म्हळें, ''उपाय ताणें करून घेतला आनी पयशे म्हाका दी म्हणटा? खरें सांगपाचें म्हळ्यार म्हजेकडेन तुका दिवपाक कांयच पयशे नांत.''

निमणें कोलेदाद आनी मोर हें झगडें जाग्यार घालपाक न्यायाधीश अस्वला म्हऱ्यांत गेले. कोलेदादान आपले विचार ताचे मुखार मांडले. त्या अस्वलान सांगलें, ''मोरान सोंशाक कोलेदादागेर व्हेल्लो देखून मोरानच कोलेदादाक पयशे दिवंचे पडटले. ताचेकडेन पयशे ना जाल्यार दुसरी कसलीय भेटवस्तू दिवंची पडटली.'' मोरान सट्ट करून म्हळें, ''तशें जाल्यार हांव ताका म्हज्या पिसाऱ्यांतलीं कांय सोबीत पिसां काडून ताका दोन आयणे करून दितां.'' दोतोर कोलेदादान तागेलें म्हणणें मान्य करून घेतलें. थारायल्या प्रमाण मोरान सोबीत आयणे करून ताका हाडून दिले आनी कोलेदादान ते घेवन जावं आयणे तरी मेळ्ळे म्हूण उमेदीन वारें घेत बसलो.

***

२. सूख आसा थंय दुख्ख आसाच



एक वेपारी आशिल्लो. तो खावन जेवन सुखी आशिल्लो. पूण तागेली बायल मात तागेल्या येणावळीचेर समादानी नाशिल्ली. सदांच कसलेंय निमित्त काडून झगडटाली. ते खातीर तो एक दीस वितरागून घर सोडून गेलो. वतां वतां वाटेर ताका तळें मेळ्ळें. तो तातुंतलें उदक पियेलो आनी थंयच बसलो. आपल्या मनांतले विचार परते मनांत घोळोवंक लागलो. घोळयतां घोळयतां तागेल्या दोळ्यांत दुकां आयलीं आनी तळ्यांत पडलीं. इतल्यान एक सुंदर कन्या तळ्यांतल्यान भायर आयली आनी ताका म्हणूंक लागली, "आरे अशें सुतकी मुखामळ कित्याक घेवन बसला?" ताणें रोखडीच आपले बायलेची गजाल तिका सांगली.

त्या उतराक ताणें म्हळें, "म्हजी परिस्थितीय तशीच जाल्या. म्हाका तरी कोण आसा? ह्या तळ्यांतल्या नुस्त्यां वांगडा घुस्मटून हांव जिवीत सारतां. जण एकल्याच्या वाट्याक सुख-दुख्ख येत रावता. तुका जर सुखूच जाय जाल्यार हांव तुका एक मुदी दितां. तिचे कडेन जाय तें माग ती तुका दितली. ती मुदी तुका सुखच दितली दुख्ख दिवची ना."



ताणें मागीर मुदयेकडेन जाय तें मागपाक सुरवात केली आनी तें तें ते मुदयेन ताका दिलें. सगळें बशिल्ले कडेन ताका मेळूंक लागलें. ताणें घर मागलें, ताका घर मेळ्ळें. सगळें सामान घरांत बशिल्लेकडेन मेळूंक लागलें. ताणें मागीर भायर वचपाचें सोडून दिलें. सुशेगाद न्हिदो काडपाक लागलो. आनी आंगान मोठोच जालो. ताचेकडेन चलपाक जायना जालें. धोंपरां सामकीं दुखपाक लागलीं. पयलीं भशेन सुटसुटीत कामां करूंक जायनाशिल्लीं. मागीर परतो तो तळ्या म्हऱ्यांत आयलो आनी ते सुंदर कन्येक म्हळें, ''तुगेले मुदयेन सगळ्यो वस्ती दिल्यो. सुखच सूख दिलें. पूण ताचे फाटोफाट दुख्ख आपसूकच म्हज्या वांट्याक आयलें.''

त्या उतराक तिणें म्हळें, ''सूख आनी दुख्ख आमच्या जिविताचे दोन घटक.''

***

३. कुमार आनी चानी



एकलो मडकीं करपी कुमार आशिल्लो. तो खूब बरे मनाचो आशिल्लो. एक दीस तो मडकीं करपाचें काम करतालो. इतल्यान जेवणाचो वेळ जाल्ल्यान तो सदचेवरी झाडाखाला येवन बसलो आनी जेवपाक सुरवात केली. जुस्त तेच वेळार एक चानी ताचे म्हऱ्यांत चींऽ चींऽ करत आयली. ताणें तिका इल्लेंशें जेवण दिलें. तें खावन तो आनी इश्टिणी वांगडा एकमेकांक धरपाचो खेळ खेळपाक लागलीं.

सदचेवरी कुमार जेवणाक बशिल्लो आसतना चानी सदां ताचे म्हऱ्यांत आयली. ताणें तिका जेवण आनी बटाट्याचो फोडी दिल्यो. चानयेन त्यो खाल्यो. ती सुशेगाद आपले वाटेन वताली. इतल्यान एक मुंगूस तिच्या आंगार आयलो आनी म्हणूंक लागलो, ''तूं सदांच खुंय वता तें सांग आनी इतली मोठीय जावपा फाटलें कारण सांग. ना जाल्यार तुका हांव खावनूच उडयतलों.'' चानी भिली आनी तिणें कुमाराची गजाल सांगली आनी तातुंतलें अर्दें जेवण मुंगुसाक दितां म्हूण सांगलें.

चानी सांगिल्ल्या प्रमाण आपल्या जेवणांतलो अर्दो वांटो मुंगुसाक

हाडून दिताली. ते खातीर चानयेक फावो तितलें खावंक मेळनाशिल्लें. ती दीस वता तशी बारीक शिडशिडीत जाली. मडकीं करपी कुमारान विचारल्यार सांगताली, ''म्हाका खंय सुशेगाद न्हिदपाक मेळटा? म्हाका खूब कामां करचीं पडटात.'' हें जुस्त झुडपांत न्हिदेचें संवंग करून पडिल्ल्या कोल्यान आयकलें.

एक दीस कोलो चानी कितें करता म्हूण पळोवपा खातीर तिचे फाटोफाट गेलो आनी लिपून रावलो. तेन्नाच मुंगूस थंय आयलो आनी चानयेक दिल्लें जेवण जेवलो आनी आपल्या घराकडेन वचूंक लागलो. कोल्यान त्या कुळकुळीत जाल्ल्या मुंगूसाक पळयलो आनी ताच्या तोंडाक उदक सुटलें. रोखडीच ताचेर उडी मारून ताका मारून उडयलो आनी खावंक लागलो. झाडार खेळटना चानयेन हें जुस्त पळयलें आनी तिका उमेद जाली. ती ह्या जेवण दिवपाच्या करारांतल्यान सुटली.

मागीर चानी कुमार दिता तें जेवण जेवन मोठीच जाली. तेन्ना कुमारान विचारलें, ''चानयेबाय, आतां मोठी कशी जाली? कामां करपाचीं सोडलीं?''

''तशें न्हय कुमारदाद, तूं दितालो त्या जेवणाचो अर्दो वाटो मुंगूसाक दितालीं.'' कुमारदादाक हें आयकून खूब उमेद जाली. ताणें चानयेबायक म्हळें, ''म्हजे भशेन तूं उदारमनाची आशिल्ली हें म्हाका खबर नाशिल्लें. तुवें फकत आपलोच विचार केलो ना तर दुसऱ्यांकूय मजत केली.''

तेन्ना सावन कुमार आनी चानयेची इश्टागत घट जाली. आनी ताणें चानयेक आपल्यागेर व्हेली.

***

४. चेतन आनी परी



एका गावात चेतन नावाचो चलो रावतालो. ताका क्रिकेट म्हळ्यार सामको आवडिचो खेळ आशिल्लो. तो स्कुलांतल्यान येताकूच स्कुलांतली बॅग कुशीक उडोवन आवयन हाडिल्ल्या बॅट बॉलान आंगणांत क्रिकेट खेळटालो. ताका आजो आनी आजी आशिल्लीं. तीं एकटींच रावतालीं. जेन्ना स्कुलाक सुटी पडटाली तेन्ना चेतन आजयेगेर वचून रावतालो आनी स्कूल सुरु जावचे आदले दिसा आपल्या घराकडेन येतालो.

स्कूल सुरु जाल्ल्यान कोणाचें आजयगेर वचप जालें ना. म्हूण आवयन चेतनाक सांगलें, "आयज आयतार आसा. हो विसवण घे आनी आजयेगेर वच आनी जेवन सांजवेळचो घरा आयल्यार जालें." चेतनान आवयक हयकार दिलो आनी विसवण, आपलें खेळाचें बॅट आनी बॉल घेवन आजयेगेर वचपाक भायर सरलो. रस्त्यावयल्यान गेलो जाल्यार वेळ जातलो म्हूण पांयवाटेन वचपाक लागलो. वतां वतां वाटेर ताका रान लागलें. थंय ताका रानटी झाड दिश्टी पडलें. त्या झाडाक मुळां

फुलां फुलिल्लीं. ताणें थंय सकयल पडिल्लें एक फूल हातांत घेतलें तें फूल हातांत घेतकीच त्या फुलांतल्यान विचित्र आवाज येवंक लागलो. म्हूण ताणें तें फूल भिवनूच परतें सकयल उडयलें आनी तो मुखार वचपाक लागलो. इतल्यान एक सुंदर परी त्या फुलांतल्यान भायर आयली आनी ताका उलो मारूंक लागली. ताणें वळून पळयत जाल्यार सुंदर परी उबी आशिल्ली. तिणें ताका म्हळें, ''तुजी कसलींय कामां करपाचीं आसल्यार म्हाका सांग. हांव तुका मजत करतां.''

चेतनाक क्रिकेटीचें पिशें आशिल्ल्यान ताणें परीक सांगलें, ''हें नुस्तें व्हरून म्हगेले आजयेक दी.'' मागीर परीन एका सादारण चलयेचो भेस केलो आनी तागेले आजये म्हऱ्यांत गेली. चेतनान नुस्तें तुका धाडून दिलां म्हूण आजयेकडेन दिवन आयली. हेवटेन चेतन आपल्या घराकडेन वचनासतना थंयच रानांत गोरवां राखपाक आयिल्ल्या भुरग्यां वांगडा लागींच आशिल्ल्या मळार क्रिकेट खेळपाक लागलो. मागीर भुरग्यांनी हाडिल्लीं फळां खावन आनी इल्लेंशें तागेलें जेवण जेवन परतो क्रिकेट खेळपाक लागलो. खेळटां खेळटां तागेलो बॉल थंय लागसार आशिल्ल्या तळ्यांत पडलो. तो बॉल काडपाक वचपाकूच आजी तो बॉल घेवन वयर आयली आनी ताका म्हळें, ''तूं हांगा खेळटा?'' तेन्ना चेतन भिलो आनी ताणें म्हळें, ''म्हाका माफ कर. हांवें क्रिकेट खेळपा खातीर आईन दिल्लें नुस्तें परिकडेन धाडून दिलें. आजी एक काम कर आईक मात ही गजाल सांग नाका.'' अशें म्हणून तिचे पांय धरले. रोखडेंच आजयेचें रूप घेतिल्ले परीन आपलें खरें रूप दाखयलें आनी चेतनाक तिणें म्हळें, ''हांवेंच तो बॉल म्हजे शक्तीन तळ्या मेरेन व्हेलो. तुका तुजे चुकीची जाणविकाय करून दिवपा खातीर.''

मागीर परीन ताच्या माथ्यावयल्यान हात भोंवडायलो आनी सांगलें, ''आपले आवयची आज्ञा पाळपाक जाय आनी वेळार घराकडेन वचपाक जाय.''

***

५. आवयची देख



कुळें वाठारांत दोग जाण उरट गावचाले. ताचें नांव राम आनी प्रकाश. ते दोगूय एकाच वर्गांत शिकताले. दोगूय शिकूंक हुशार आशिल्ले.

एक दीस सदचेवरी शाळेंत वतना वाटेर एकलो फळां विकपी बशिल्लो. एकल्यान तागेलीं पेरां विकतीं घेतलीं आनी पयशे दितना तागेली एक ५० रुपयांची नोट सकयल पडली. त्या दोगांयनी ती पळयली. रामाक दिसलें, ती नोट काडून त्या मनशाक दिवची. पूण प्रकाशान म्हळें, ''हांव ही नोट म्हजेकडेन दवरतां.'' रामान म्हळें, ''नोट कोणाची म्हूण कळटकीच तागेलें ताका परत दिवंक जाय.'' तुजें शाणपण म्हाका नाका अशें म्हूण प्रकाशान ती नोट आपल्या पुस्तकांत घाली.

घराकडेन वतकच प्रकाशान ती नोट आवयकडेन दिली. आवयन खंयच्यान हाडल्या म्हूण विचारी नासतना ती नोट अपुरबायेन आपल्याकडे दवरली. हाचे उपरांत कांय दीस गेले. प्रकाशाक आपल्याक नांवांक न म्हूण उमेद जाली. आपणें अशेंच खूब किर्ते करून दिल्यार आवय खूब अपुरबाय करतली म्हूण तो चोरून पयशे हाडून दिवंक लागलो. शाळेंतल्या




भुरग्यांचे रब्बर, पॅन्सिल्यो चोरपाक लागलो. ताका चोरपाची संवय जाल्ल्यान तागेलें अभ्यासा वयलें लक्ष कमी जायत गेलें. रामानूय ताची इश्टागत सोडली. प्रकाशाच्या मनांत फकत चोरपाचेच विचार घोळपाक लागले. एक दीस तो दरोडेखोर जालो, आपल्या साथीदारां वांगडा सोरो पिवपाक लागलो. वाड्यावयले लोक तागेले आवयक 'चोराची आवय' म्हूण उलो मारपाक लागले. समाजाकडचो तिगेलो संबंद तुटलो.

ते खातीर आवयन भुरग्यांक वायट काम करपाक लागतकीच ल्हान आसतनाच ताका बरी शिकवण दिवंक जाय. वायट परिणामाची जाणविकाय करून दिवंक जाय.

***

६. हुशार माकोड



एका शारांतल्यान गांवांत वचपी एक वाटचार आशिल्लें. ते वाटेर खूब झाडां आशिल्लीं. त्या झाडांचेर हयचेन तयचेर उडी मारून माकोड आनी ताचें पील गवतालें. जेन्ना पावस पडटा तेन्ना माकडाक दिसतालें आपलेंय एक बरें घर आसचें आनी जसो पावस गेलो तसो आपले पावसांतले दीस विसरून माकोड मागीर उमेदीन नाचूंक लागतालो.

एका वर्सा पावसाचे अशेच दीस आशिल्ले. दडगुणाचो पावस पडटालो. माकोड मात आपल्या पिलाची राखण करपा खातीर ताका सामको वेंगेंत घेवन बशिल्लो. इतल्यान तो बशिल्लो तीच खांदी मोडली म्हूण माकडान आकांतान थंयच्यान उडी मारपाक. ताचेले वेंगेंत आशिल्लें पील सकयल पडलें आनी जखमी जालें. उपचारा खातीर ताका खूब व्हरतले म्हूण ताचेर आकांत आयलो आनी आपल्या पिलाचे मायें खातीर पावसाच्या झडमडयांतल्यान चलत गावलो. निमणें ताका विजेचे दिवे पेटपी एक बंगलो दिश्टी पडलो. थंय कुडकुडत पिलाक वेंगेंत घेवन बसलो. जुस्त त्या बंगल्यांतल्या सुण्यान तांकां पळयलें आनी अनुभवांचो कूं

कूंऽऽ आवाज काडून आपल्या धनयाक भायर आपोवंक लागलो.


धनी तागेल्या आवाजान भायर आयलो आनी ताचे फाटीवेल्यान हात भोंवडायलो. तरीय तो कूंऽ कूंऽ करून गेटीकडेन पळोवंक लागलो. धनयान आपले वेंगेंत घेंवन बशिल्ल्या माकडाक आनी पिलाक ज्युस्त पळयलें. धनयान गेट उक्ती केली आनी तांकां भितर घेतलीं. माकडा पिलाक पळयत जाल्यार ताचें आंग घायांनीं भरिल्लें. त्या धनयान ताका वखद लायलें. पट्टी बांदली आनी खावंक केळीं दिलीं. सुमार एक आठवडो तीं थंयच रावलीं. पील बरें जातकीच माकोड आपल्या पिलाक घेवन दुसऱ्या झाडाचेर रावंक गेलो.

खूब दीस गेले. एक दीस त्या बंगल्याचो धनी आपले गाडयेंतल्यान कामाक वतालो. इतल्यान वाटेक ताची गाडी इबाडली आनी तो गाडयेक चावी करिनासतना मॅकानिकाक सोदपा खातीर मात्सो पयस गेलो. हाची संद घेवन तागेल्या पयशांची बॅग घेवन चोर धांवपाक लागलो.

इतल्यान थंयच माकडांची सभा भरिल्ली आनी तातूंत तो माकोड आनी ताचें जखमी जाल्लें पील आशिल्लें. आपल्याक उपचार केल्ल्या मनशाचे गाडयेक माकोड वळखतालो. ताणें आनी वेळ केलो ना. माकडान त्या चोराची फाट धरली आनी ताका धरून ताच्या हातांतली बॅग काडून घेतली आनी हेर माकडांनी त्या चोराक बुड्डिलो आनी जखमी केलो. चोर मागीर आड्ड्यो मारीत धांवत गेलो. मागीर माकडान त्या मनशाची बॅग घेतली आनी तो येसर ते गाडये म्हऱ्यांत बसून रावलो.


***

७. बको आनी कोगूळ



एक बको शेता मेरेर भोंवन नुस्तें, [illegible] आनी [illegible] ते खातालो. ताका परती परती भूक लागताली आनी तो मळ्ळ्यांच्या [illegible] वचून नुस्तें सोदून खातालो. बारीक बारीक किडे लेगीत खातालो. एक एके शेताचे मेरेकडेन एक व्हडलें चिंचेचें झाड आशिल्लें. त्या झाडाचेर एक कोगूळ आपल्या पिलांक घेवन घोंट्यांत रावतालें. तें कोगूळ गोड, नितळ वातावरणांत गाणें म्हणटालें आनी आपल्या पिलांक खावयतालें आनी खेळयतालें. बक्याक हें पळोवन मत्सर जातालो आनी आपूण गाणें म्हणपाचो यत्न करतालो. कोगूळ मागीर ताका वयल्यान हांसयतालें. कूंय कूंय तुका गाणीं म्हणपाक येना... त्या उतराक बक्यान म्हळें, "म्हजो रंग पळय कितलो धवोफुल्ल तो. म्हजीं सगळीं अनुकरण करतात. तुजो फक्त आवाजूच सगळ्यांनीं आयकुपाचो आनी कितें?"

तरीय बक्याक दिसतालें आपणें शिकपाक जाय म्हूण. ते खातीर तो एक दीस उडून एके खोपीकडेन गेलो. थंय माकोड, ससो, कोल्लो आनी कांय जनावरांची सभा भरिल्ली. थंय माकोड भाशण करतालो. कोल्लें



सगळ्यांक बसपाक जागो करून दितालो आनी सोसो सगळ्यांक खावंक पिवंक दितालो. तेन्ना बको ओग्गी वचून थंय उबो रावलो. ताणें माकडाक म्हळें, ''माकोडदाद, माकोडदाद एक सांग म्हाका, रूप श्रेश्ठ काय गूण श्रेश्ठ'' तेन्ना माकडान आपले नाटकीय पद्दतीन विचार केलो आनी सांगलें, ''पळय बकोबाब, प्रत्येक जाणाक एकेक कला दिल्या. ती म्हळ्यार कोणाक बुद्द बरी दिल्या. देखीक कोलोदाद. कोणाक मेंदूच दिलो ना. तें म्हळ्यार आमचें गाढव. कोणाच्यान धावंक जायना तो म्हळ्यार आमचो हत्ती. हरणाक तर कोणूच धरपाक शकना. नुस्त्याक पळय तें उदकांत जिवें उरता भायर काडल्यार मरता. आमी तशे उदकांत रावंक शकतात? मरून वतले मरे. प्रत्येक जणांक जल्मा सावन हें सगळें मेळटा. फाल्यां तुका कोणेंय गाणें शिकयलें म्हूण तुज्यान कोगुळाभशेन म्हणूंक जावचेंना. आतां पळय जर कोगूळाक दुदान न्हाणयल्यार तें गोरें जातलें व्हय? मागीर त्या कामाक कोगूळाक पळोवन तुका कित्याक वायट दिसता? जण एकल्याक आपले कुडीचो अभिमान आसपाक जाय.

***

८. बुद्दो वेपारी



एक साद्यासरशें गांव आसा. त्या गांवांत बुद्दो नांवाचो वेपारी रावतालो. ताका एकूच चलो आशिल्लो.

बुद्दो वेपारी खूब कश्टी सभावाचो आशिल्लो. ताका पोट आशिल्लें. पूण तातुंतल्यान ताका कांयच तितलो फायदो जायनाशिल्लो. देखून ताका हेर खर्चा खातीर दुसरीं कामां करचीं पडटालीं. तो कितें करतालो, बाजारांत खाजें, लाडू, चणे, भिकणां विकतालो आनी हेर दिसानी रस्त्या भायर बसून चणे-भिकणां विकतालो. बायल लोकांक गोंदडचे, पटे करून दिताली. चलो मात जुगार खेळटालो आनी सोरो पिवन घरा येतालो आनी बापायक वायट उतरां दितालो. आपल्याक कांयच पयशे करून दिवचे नांत म्हूण खंत उक्तायतालो. चलो बापायच्या कामाक हातभार लायनाशिल्लो. वयल्यान बापायच्या कामाची ताका लज करची दिसताली आनी आपल्या इश्टांक तो आपलो बापूय म्हूण सांगपाक फाटींकुडें सरतालो.

असोच कांय तेंप गेलो. बुद्दो वेपाऱ्याकडल्यान आदलेवरी काम करपाक जायना जालें. तरीय बेकार बसल्यार आपल्याक कोण खावयतलो

म्हूण शेतांत कामांक गेलेबगर रावनाशिल्लो.

एक दीस ताका काम करतां करतां घुंवळ आयली आनी तो शेता मेरेर येवन न्हिदलो. थंय लागसारूच काम करप्यांनी ताका पळयलो आनी ते थंय धांवून आयले. ताच्या तोंडार उदक मारलें. ताका दोतोरागेर व्हेलो. दोतोरान तो मेलो म्हूण सांगलें. पुताक आयतेच पयशे मेळटाले ते ना जावन गेले. बापायचें काम ताचे कडल्यान जायना जालें आनी तागेल्या वायट वेसनांक लागून कोणूच ताच्या म्हऱ्यांत येना जालो. निमणें आपूण चुकलों हाची जाणविकाय जाली आनी तो एक दीस घर सोडून गेलो.

वतां वतां वाटेर ताका घरां दिश्टी पडलीं. थंय एक ब्राह्मण दारांदारांनीं वचून भिक्षा मागतालो. भिक्षा घेतली आनी एका झाडापोंदा बसून चूल पेटयली आनी एका आयदनांत तें शीत शिजयलें. पेज करून जेवलो. मागीर तो ब्राह्मण लागींच आशिल्ल्या देवळांत वचून भजन म्हणपाक लागलो. न्हिदपाचो वेळ जातकीच थंयच कुशीन न्हिदलो. हें पळयतकच बुदो वेपाऱ्याच्या पुताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवंक लागलीं आनी म्हणूंक लागलो, ''पोटाखातीर केल्लें खंयचेंय काम वायट न्हय आनी ताका कमी लेखचें न्हय.''

***

९. प्रामाणीक खेतें



एका गांवांत एक जाण्टेली बायल रावताली. तिका दोन पूत चले. ते कामाक वतकीच ही जाण्टेली घरांत एकटीच आसताली. ते खातीर पुतांनी तिका एक खेतें हाडून दिलें.

जाण्टेली किर्ते करताली. पूत जशे कामाक गेले तशें करून बल्कांवाचेर आपलें शिवणसूत आनी विणपाचें काम करताली आनी त्या खेत्याची बेसबरी अपुरबाय करताली. खेतेंय ती सांगता तें सगळें आयकतालें आनी तिची सेवाय करतालें. तें खेतें इतलें हुशार आशिल्लें की, ताका कोण चोर आनी कोण सात रोखडेंच कळटालें. कोणाचोय दुबाव आयलो जाल्यार ताच्या पांयांक घट्ट धरतालें. ते खातीर सगळेच लोक खेत्याच्यान वचपाक कांचवेताले. तिगेले पूत घरा येतना त्या खेत्याक केळीं आनी हेर फळां खावंक हाडटाले.

दनपारचें एक वर जालें काय ना, आपल्याक वाड म्हूण जाण्टेलेक तें उठयतालें. मागीर सगळीं वांगडाच जेवतालीं. आपलें जेवण जालेकीच खेतें त्या बल्कांवांत येवन बसतालें. मात्सो खटखूट आवाज आयल्यार



आपली शेपटी फुलोवन उठून बसतालें.

हे जाण्टेलेकडेन खूब दागदागिने आशिल्ले. ते तिणें एके पेटयेंत घालून रांदचेकुडींत दवरिल्ले. ती पेटी उक्ती करतना वाटेवयल्यान वचपी एका चोरान दारांतल्यान पळयल्लें. ते दागीने तो चोर चोरपाचो खूब यत्न करतालो. पूण ह्या खेत्याचीच ताका आडखळ जाताली. एक दीस चोरान येवजिलें, खेतें आपल्याक इश्टाक मेळपाक वता तेन्नाच हें काम करपाचें. खेत्याचो असो थारावीक वेळ नाशिल्लो परतें घरा येवपाचो.

एक दीस खेतें सदचेवरी इश्टाक मेळपाक गेलें. इतल्यान फाटल्या दारांतल्यान चोर भितर सरलो. पेटी उक्ती केली आनी ते सगळे दागिने एका कपड्यांत गुठलायले आनी वचपाची तयारी करपाक, खेतें आपल्या इश्टाक जखम जाल्या म्हूण हळद व्हरपा खातीर नीट रांदचेकुडींत गेलें. आवाज येतकीच चोर धांवपाचो यत्न करपाक लागलो. इतल्यान खेत्यान ताच्या पांयाक घट्ट धरलें आनी घरांतल्या सगळ्यांक बोवाळ करून आपयलें आनी चोराक तांचे सुवादीन केलो. अशे तरेन खेत्यान आपलेंच घर अशें समजून चोराचे तावडींतल्यान मोलादीक वस्ती मेळोवन दिल्यो.

***

१०. अजीत आनी देवदूत



एक गांव आशिल्लो. थंय अजीत नांवाचो [illegible] ताका आवय नाशिल्ली. ते खातीर बापायन ताका दुसरी आवय हाडली. घरांत नवीच येतकच ती अजीताक खूब बरी करपाक लागली. जें जें सांगता तें रोखडीच हाडून दिताली. जेन्ना तिका ल्हान बाबू जालो, तिणें अजीताची वासपूस करपाची सोडून दिली. अजीताक तिणें चवथी [illegible] मेरेन शिक्षण दिलें आनी गोरवां राखूंक दवरलो. ताका गणिताची खूब आवड आशिल्ली. ते खातीर तो हेर भुरगे थंय येताले तांचेकडल्यान गणितां शिकून घेतालो. तो थंय लागसारूच गोरवां चरयतालो आनी तीं मेजून घेवन येतालो.

एक दीस सदचेवरी अजीत गोरवां चरोवपाक घेवन गेल्लो. हेर भुरग्यांकडल्यान गणितां शिकून घेतालो. तागेलीं गोरवां थंयच चरतालीं. चरतां चरतां एक गाय कळपांतल्यान सुटली आनी नाच्च जाली. कितलें सोदली तरी ताका ती मेळ्ळी ना. अजीत खूब भिलो आनी थंयच एका फातराचेर बसून रडपाक लागलो. सगळे भुरगे आपलीं गोरवां घेवन घरा

परतले. काळोख जावपाक आयलो तरी तो थंयच्यान वचना जालो.

इतल्यान एक देवदूत थंय प्रगट जालो आनी ताणें म्हळें, ''बाबू तूं कित्याक रडटा?'' ताणें आपलें रडपाचें कारण ताका सांगलें. ''म्हजी गाय शेणल्या. आवय म्हाका घरांत घेवची ना. पयलींच म्हाका सारकें खावंक जेवंक दिना. आतां तर ती म्हाका सामकीच उपाशीं दवरतली.'' तेन्ना देवदूतान एक बडी घेवन गोल घुंवडायली. रोखडीच अजीताची गाय शेपटी हालयत येवन उबी रावली.

मागीर देवदूतान अजीताक एका झाडापोंदा बसयलो आनी जाय तितलें खावंक दिलें. बरे कपडे आनी मोतयांचे हार दिले आनी अजीत उमेदीन नाचत नाचत गोरवांक घेवन घरा आयलो. ताचो हो भेस पळोवन आवयक खूब अजाप दिसलें. हो आनी कसलो जादू काय म्हूण!

ते खातीर ती एक दीस अजीत खंय वता थंय फाटोफाट गेली आनी झाडाफाटल्यान लिपून रावली. तेन्ना जुस्त देवदूत अजीताच्या म्हऱ्यांत आयलो आनी ताका मागता तें दिवंक लागलो. तें पळोवन आवय रोखडीच थंयच्यान घरा परतली. दुसरे दिसा अजीत वचचे पयलीं त्या जाग्यार गेली. देवदूताची प्रार्थना केली. रोखडोच देवदूत थंय प्रसन्न जालो. तिणें देवदूताक म्हळें, 'म्हाका न्हेसूंक पांगरूंक दी'' देवदूताक रोखडेंच कळ्ळें, ती अजीताची दुश्ट आवय म्हूण. देवदूतान किदें केलें, बडी घुंवडायली आनी तिका जाय तें तिचे मुखार दवरलें. तिणें उमेदीन ताका हात लायलो जाल्यार तें सामान सगळें मातयेचें जालें. ती थंयच्यान धावंक लागली. देवदूतान तिका रावयलें आनी सांगलें, ''तुका जर हें सगळें वैभव जाय, जाल्यार तुवें अजीताक आवयचो मोग दिवंचो पडटलो.''

तिणें तें मान्य केलें. मागीर देवदूतान तिका जाय त्यो वस्तू परत्यो आसा तशो करून दिल्यो.

***


११. कीर आनी माकोड



काणकोणा वनना कदमल धार आसता. थंय एका सोड्यालागीं एक व्हडलें पणसाचें झाड आशिल्लें. त्या झाडाचेर कीर आपल्या पिलांक घेवन गवतालो. ताची इश्टागत एका माकडाकडेन आशिल्ली. ते एकमेकाचे बरे इश्ट आशिल्ले. ते प्रसंगार एकमेकाक पावताले.

एक दीस कीर खूब बरो नाशिल्लो. माकडान ताका आपल्या पाटीर बसोवन सोंशेबाबा म्हऱ्यांत व्हेलो. दोतोर सोंसो म्हळ्यार काननाचो पुरलो कशी. तो आपल्या दवाखान्यांत बशिल्लो. तागेलें काम झाडपाल्याचें वखद दिवपाचें. किराक ताणें बरेभशेन तपासलो आनी दुवां खावयक लायल्यो. माकडान ताका तपासपाची फी म्हूण गाजरां हाडून दिलीं.

माकडाक आनी घर खंय आसता! तो बापडो झाडाचेर गवतालो. एक दीस माकोड पावसांत खूब भिजलो आनी ताका जोर आयलो. ताणें मागीर किराक उलो मारलो आनी जागयलो. किरान आपल्या इश्टाखातीर पिलांची पर्वा करिनासतना दोतोर सोंशेबाबा म्हऱ्यांत गेलो आनी माकोड जोरान कुडकुडटा हाची बातमी कळयली. सोंशेबाबान किराक सांगलें. तूं



मुखार वच आनी उदकाची घडी कपलाचेर दवर आनी तुळशीचीं पानां हाडून दवरपाक सांगलें.


मागीर सुमार अर्दवरान सोंशेबाब आपलें पेटूल घेवन माकडाक तपासूंक गेलो. ताणें ताका तपासलो आनी तुळशी पानां चाबून खावंक लायलीं. माकडाचो जोर कमी जातकीच सदचेवरी तो कामांक गेलो.

लांडग्याक आपल्या इश्टाची दोतोरकी बरी चलता म्हूण सोंशाची नसाय जाताली. कित्याक म्हळ्यार सोंशाचे सुंदरकायेक लागून सगळीं जनावरां ताच्याच म्हऱ्यांत उपाचारा खातीर वतालीं.

एक दीस लांडग्यान बरो नाशिल्ल्याचें सवंग करून कुटतकुटत सोंशा म्हऱ्यांत आयलो आनी आपलो पांय मोडला म्हूण सांगलें. सोंशेबाब ताच्या पांयाक झाडांचीं कापटुलां हाडूंक भितर गेल्लो. हाची संद घेवन लांडगो ताच्या फाटोफाट भितर गेलो आनी ताका खावन उडयलो.

***

१२. मुंगूस आनी जिवाणें



एका झाडाचेर खूब कावळे रावताले. ते दिसभर भायर पडल्यार धांवन वचून सावज मेळोवपाच्या कामाक लागताले. थंय कावळ्यांचीं पिलां आशिल्लें. थंय एक जिवाणें आपल्या रोगाक येवन रावतालें. कावळे जेन्ना सावज सोदपा खातीर वताले तेन्ना जिवाणें झाडाचेर चडून कावळ्यांचीं तातयां आनी पिलांक खातालें. आयल्या बिळांत जिवाणें म्हण्टना तें गजाल फट न्हय. ताका जर आडावक गेल्यार तें चाब मारून जीवेंच मारतालें. ह्या जिवाण्याकडल्यान सुटका करून घेवपा खातीर एक दीस कावळ्यांनी आपली सभा आपयली आनी ते बसकेंत गीद लेगीत हाजीर आशिल्लो.

कावळे आनी गीद मेळून सगळे मुंगूसराजा म्हऱ्यांत आयले. तेन्ना मुंगूस आपल्या पिलां वांगडा खेळटालो. खूब कावळ्यांक आनी गिदाक पळोवन मुंगूसाचीं पिलां आपले आवय म्हऱ्यांत धांवलीं. मुंगूसराजान कावळ्यांक आनी गिदाक आपल्या आंगणांत बसयले आनी आपल्या म्हऱ्यांत येवपाचें कारण विचारलें तेन्ना मुखेलो कावळो रडूंक लागलो.

मुंगूसान ताचीं दुकां पुसलीं आनी विचारलें, ''कावळेदाद, रडपासारकें अशें जालें तरी कितें?'' मागीर ताणें आपल्यो व्यथा सांगल्यो. तर मुंगूसान म्हळें, ''हांवूच त्या जिवाण्याक बुद्द शिकयतां. तें खंय रावता तें म्हाका सांग. मुंगूस कावळ्यांच्या आनी गिदाच्या फाटल्यान गेलो. मुंगूस आपल्या दारांत उबो रावला तें पळोवन जिवाणें भियेलें आनी मुंगूसाक पळोवन म्हणपाक लागलें, ''कितें मुंगूसराजा हांगा सो आयला? म्हजी कसली चूक जाली?'' मुंगूसान म्हळें, ''तूं कावळ्यांचीं ताततयां आनी पिलां खाता म्हूण आयकलां तें खरें?'' जिवाण्यान म्हळें, ''हांव कित्याक तांगेलीं तांतयां खावंक वचूं? हांव उपाशीं पडलां काय कितें तांगेलीं तातयां आनी पिलां खावपाक?''


मुंगूसान आनी कळाव केलो ना. ताच्या बिळा म्हऱ्यांत गेलो आनी ताच्या पोरांक खावन उडोवपाचो यत्न करपाक लागलो.

इतल्यांत जिवाणें धांवत ताचे म्हऱ्यांत आयलें आनी ताका पांय पडपाक लागलें. ''म्हजें चुकलें. हांवेंच तांगेलीं तांतयां आनी पिलां खाल्लीं. आपल्या पिलांक खाल्यार कितलें दुख्ख जाता हें म्हाका आतां कळ्ळें''

जिवाण्यान कावळ्यांची माफी मागली आनी केन्नाच तुमचे वाटेक येवचें ना म्हूण सांगून आपल्या पिलांक वेंगेंत घेवन अपुरबाय करून रडूंक लागलें.

***

१३. शूर घोडो



कामाचले गोपाळ नांवाचो वेपारी रावतालो. ताणें एका ल्हान घोड्याक हाडून पोशिल्लो. ताणें ताची व्हड जायमेरेन अशी अपुरबाय बरी केली. जसो तो व्हड जालो गोपाळ वेपारी ताचेर सामानाचीं, धान्याचीं घोणीं घालून व्हरतालो. ते खातीर घोड्याचें आंग खूब दुखतालें. कितलेंय आंग दुखलें तरी ताच्या आंगावयल्यान केन्नाच तो अपुरबायेन हात भोंवडाय नाशिल्लो. केन्नाच ताचे आवडीचे चणे खावपाक दिनाशिल्लो. ते खातीर एक दीस तो घोडो बेजारून गांव सोडून गेलो.

दुसऱ्या गांवांत पावतकीच एका गिरेस्त मनशाची ताचेर नदर पडली. ताचें नांव धनवंत आशिल्लें. घोड्यान ताका पांय वयर करून नमस्कार केलो. धनवंतान ताका आपल्यागेर व्हेलो. ताची अपुरबाय केली आनी ताका आवडीचे चणे खावयले. ताच्या बदलाक तो घोडो ताका आपल्याचेर बसोवन पासयेक व्हरतालो. धनवंतान "तुजो धनी कोण?" अशें विचारल्यार कांयच जाप दिनाशिल्लो.

धनवंत ताका दर्यावेळेर व्हरतालो. तागेलीं भुरगीं लेगीत ताचेर


बसून आपली उमेद भागयतालीं. अशें करून मागीर ताचे पांय दुखताले. तरीकूय ताका धांवंक लायताले.

एक दीस जात्रा आशिल्ली. धनवंत घोड्याक घेवन जात्रेक गेलो. धनवंत सामान घेता हाची संद घेवन घोडो पयस वचून एका झाडापोंदा उबो रावन दुकां गळोवंक लागलो. इतल्यान थंयच्यान जुस्त तेच वाटेन गांवचो मुखेली वतालो. ताणें घोड्याक विचारलें, ''तूं कित्याक रडटा? तुज्या मालकाचें नांव कितें?'' घोडो परतीं दुकां गळोवंक लागलो.

मागीर मुखेल्यान अपुरबायेन ताचे फाटीर हात भोंवडायलो आनी म्हळें, ''तुज्या मनांत आसा तरी कितें तें सांग. तुजी इत्सा पुराय करतां.'' तशें म्हणटकीच घोड्यान आपले मुखावयले पांय वयर काडले आनी ताका नमस्कार केलो. मागीर मान सकयल घाली. ''तुका कसलें जिवित जगपाची आवड आसा?'' ''म्हाका देशाखातीर शौर्याचें काम करपाक जाय. एकाद्री म्हजी जीण चार दिसांची काय जायना म्हाका शौर्यपदक घेवन मरपाक जाय.'' अशें म्हणून घोड्यान दोळ्यांतल्यान दुकां काडलीं. त्या मुखेल्यान मागीर ताचे इत्सेप्रमाण दुसऱ्या प्रदेशांत राजाच्या राजवाड्यांत पावयलो. आनी घोडो तांच्या सैन्यांत सामील जालो. घोडो उमेदीन नाचूंक लागलो. ते खातीर आपल्याक आवड आसा त्याच जाग्याची निवड करून जिवीत सुखान सारपाक जाय.

***

१४. सोनाली आनी राजकुमार



एका गांवांत सोनाली नांवाची चली रावताली. तिका बापूय नाशिल्लो आनी आवयची भलायकी बरी उरनाशिल्ली. सोनालीक पोटाखातीर काम करचें पडटालें. तें घरांनी वाड्यार तें दूद घालपाचो धंदो करतालें आनी मालकीण पगार दिता ताचेर आवयक कश्टानं पोसतालें.

एक दीस सदचेवरी तें माथ्यार दुदाची कॅन घेवन वतालें. वाटेर ताका एक शाळा लागताली. ते शाळेंतले भुरगे सदांच ताका दूद घेवन वता तें पळयताले. एक दीस त्या भुरग्यांनीं तें वता ते वाटेर जाळें घालून दवरलें आनी झुडपांत वचून लिपले. सदचेवरी सोनाली थंयच्यान वतालें. इतल्यान ताचे पांय त्या जाळ्यांत आडखळ्ळे आनी ताच्या माथ्यावयली कॅन सकयल पडून दूद सगळें व्हांवन गेलें. मालकिणीक कितें सांगचें म्हूण रडत तें एका झाडापोंदा बसलें.

इतल्यान घोड्यावयल्यान एक राजकुमार शिकारेखातीर थंयच्यान वतालो. ताणें सोनालीक रडत बसलां तें पळयलें. ताका कितें जालें म्हूण विचारलें. सोनालीन घडिल्ली सगळी गजाल राजकुमाराक सांगली. मागीर

ताणें ताका दुदाक लागता तितले पयशे दिले आनी मुखार गेलो.

सदचेवरी सांजवेळा सोनाली इश्टिणीं वांगडा वोंवळां पुंजायतालें. जुस्त राजकुमारान सोनालीक पळयलें आनी ताका आपल्या म्हऱ्यांत आफयलें. ताणें म्हळें, "तूं हो दूद विकपाचो धंदो सोडून दी आनी आमगेल्या राजवाड्यांत काम करूंक यो. मागीर तुगेले आवयचो उपचार बेस बरो करपाक मेळटलो. सकाळचें राजवाड्यांत येवन सांजवेळा काम करून गेल्यार जालें."


सोनालीन रोखडेंच राजवाड्यांत वचून काम करपाक सुरवात केली. वेवस्थीत वखदां मेळत राविल्ल्यान आवयची भलायकी दिसान दीस सुदारपाक लागली.

अशे तरेन कांय तेंप गेलो. सोनाली सुंदर दिसपाक लागलें. राजकुमाराकूय तें खूब आवडूंक लागलें. ताणें आपल्या घरांत कोणाक सांगलें ना. बऱ्या बऱ्या राजकुमारींच्यो सोयरिको राजकुमाराक येताल्यो. पूण तो तांकां न्हयकार दितालो.

एक दीस राजा, राणी आनी राजकुमार एकठांय बशिल्लीं. तेन्ना सोनाली द्राक्षांचो रस घेवन आयली. तेन्ना राजकुमारान सोनालीचो हात धरलो आनी हीच म्हजी बायल म्हूण सांगलें. राजान मागीर आपलो एकलोच राजकुमार म्हूण ताचे इत्सेप्रमाण लग्न करून दिलें. सोनालीच्या आवयकूय राजवाड्यांत रावंक आपयलें आनी सगळीं सुखान रावंक लागलीं.

***

१५. खइडोफळ



खूब वर्सां पयलींची गजाल. एका गांवांत एक शेतकार रावतालो. तो खूब स्वाभिमानी आशिल्लो. तागेल्या माथ्यार [illegible] ते खातीर ताका सगळे खइडोफळ म्हूण उलो मारताले. आपल्याक खइडो म्हणचो न्हय म्हूण माथ्याक फेटो बांदून तो शेतकामाक [illegible] येतना वतना वाड्यावयले लोक ताका खइडोफळ म्हूण उलो मारतालेच. इतलें सुंदर प्रकाश नांव आवय-बापायन दवरून लेगीत आपल्याक ताचो कांयच उपेग जालो ना म्हूण ताका खूब वायट दिसतालें. ते खातीर तो शेतांत वतना मान सकयल घालून वतालो. ताचें कसल्येंच उणें सोदून काडपाखातीर वाड्यावयल्या लोकांनी एक दीस बसका आपयल्ली आनी तातुंतल्या मुखेल्यान म्हळें, "खइडोफळ अशें उलो मारिल्ल्यान तुका खूब त्रास भोगचे पडटात. ते खातीर तूं कितें कर आमचे खातीर एक जेवणाचो बेत दवर. तेन्ना आमी तुगेलें खइडोफळ हें नांव काडून उडोवन तुका प्रकाश ह्या नांवान उलो मारतले."

श्रावणाचे दीस आशिल्ले. सगळ्यांगेर पुजेचे, हळद-कुंकवाचे दीस.

त्याच म्हयन्याच्या एका श्रावण आयतारा, ताणें जेवणाचो बेत दवरलो. ताणें कितें केलें खूब लोक जेवणांक येवपाचे आसात म्हूण वाड्यावयल्याच लोकांगेर वचून आयदनां हाडलीं आनी एकेक आयदन वेपाऱ्यांगेर घाण दवरून जेवणाक लागपाचें सामान हाडलें. जेवण सामकें सुवादीक केलें. सगळे जेवणाक बसतकीच ताणें म्हळें, ''तुमगेलें तुमीच खातले. म्हजें कितें वतलें?'' सगळे उमेदीन पोटभर जेवले. आनी पोटावेल्यान हात ओडून बरेंऽऽ येतां हाऽऽ खड्डोफळ अशें म्हणून आपल्या घरा गेले.

त्या उपरांत खूब दीस गेले. पूण खड्डोफळान आयदनां व्हेल्लीं परतीं केलीं ना. ते खातीर वाड्यावयले लोका तागेल्या घराकडेन आयले आनी म्हणूंक लागले. ''अरे खड्डोफळ, आमगेलीं आयदनां हाडून दिलीं ना मरे!'' तेन्ना खड्डोफळान म्हळें, ''हांव जाणाच आशिल्लों. एक फावट नांव दवरतकीच, मागीर तें कसलेंय जावं तें केन्नाच बदलना. ते खातीर हांवें म्हजे पयशे खर्च करिनासतना तुमगेलींच आयदनां घाण दवरून जेवणाचें सामान हाडिल्लें आनी हांवें जेवण वाडटना तशें जाणोवन लेगीत दिल्लें. तें म्हळ्यार अशें, तुमगेलें तुमीच खातले. मागीर वाड्यावयले सगळे लोक सकयल मान घालून घरा परतले. रोखडेंच तांणीं दुसरे दिसा आप आपलीं आयदनां सोदून काडून दुकानदाराचे पयशे फारीक केले.

***

१६. शेवर्णी आनी जनावरां



एका रानांत खूब जनावरां आनी शेवर्णीं रावतालीं. तीं सगळीं आपआपल्या कामांत गुल्ल आसतालीं. तीं एकमेकाचे इरेर आसून लेगीत तांकां सदांच एकमेकाक मेळप शक्य जायनाशिल्लें. त्या रानाचे कुशीक एक तळें आशिल्लें. थंय जनावरां आपल्या इश्टांवांगडा वेळ घालतालीं. तातूंत भितर जनावरांची आनी शेवर्ण्यां मदलीं इश्टागत म्हळ्यार कीर, माकोड आनी हरणामदीं. तातूंत कावळोय तांचे भितर आनलीं इश्टागत जमोवपाचो यत्न करतालो.

एक दीस अशेंच सगळे जमिल्ले आसतना किरान म्हळें, "म्हज्या आंगाचो रंग पळय कितलो पांचवोच आनी चोंच कितली तांबडी. ते खातीर सगळी मनीसजात म्हज्या रंगाची तोखणाय करता. म्हाका पांजऱ्यांत दवरून भायरच लायतात. भितर सरतना पयलीं लोक म्हजेकडेन उलयतात. मागीर भितर वतात. हांवूय तांचेकडेन उलयतां."

हें सगळें आयकतकीच माकडाक खूब राग आयलो. आनी आपली शेपडी फुलोवन म्हळें, "तुका कितें दिसता तुजीच लोक अकुवाय करतात?

मनीसजात म्हजीय खूब अपुरबाय करता. म्हजे विनोदी बुद्दीक लागून म्हाका सर्कशींत लेगीत घेतात. म्हज्या धनयाक हांव पयशे जोडून दितां.'' इतले म्हणसर हरण तळ्यांतलें उदक पिवन टुणटूण उडक्यो मारीत थंय आयलें आनी म्हणूंक लागलें. ''तुमकां कितें दिसता, तुमच्या दोगांचेर मनीसजात मोग करता म्हूण? रामायणांत लेगीत म्हजो उल्लेख केल्लो आसा. मनीस कोणाचेय सुंदरकायेची तुलना म्हज्या दोळ्यांकडेन करतात. म्हाका घराकडेन लेगीत पोसतात. म्हाका शूभ मानतात.''

''कावळोदाद, तुजो एक मनीसजातीक आवडपा सारको गूण आमकां सांगशीत?'' अशें विनोदी बुद्दीन माकडान म्हळें. त्या उतराक किरान म्हळें, ''कावळ्यांक आनी कोण म्हऱ्यांत घेतात? कावळो घरा भितर आयल्यार शांतीपाठ करतात.'' हें आयकून कावळ्याक खूब वायट दिसलें आनी त्या दिसा सावन कावळो दुख्खी जावन तांचे पासून पयस रावंक लागलो.

एक दीस कितें जालें एक व्हडली वावटळ आयली. सांजवेळचो वेळ आशिल्लो. एक पारवो आपल्या पंगडांतल्यान चुकून कावळ्यांच्या पंगडांत पावलो. कावळ्यांनीं ताचें स्वागत केलें आनी जेवण दिवन ताका बरी वागणूक दिली. सकाळ जायनाफुडें पारवो उडून आपल्या पंगडांत वचून भरसलो. ही खबर पारव्यान वचून हरणाक सांगली, कावळ्यान पारव्याक बरी वागणूक दिली म्हूण त्या उतराक हरणान म्हळें, ''तो कावळो आनी कितें करतलो? ताका कांय रंगूय ना आनी रूपय ना. ताणें हेंच समाजकार्य करपाचें.''

***

१७. माकोडु जालो राजा



एक दीस रानांतल्या जनावरांनी राजा वेंचून काडचे खातीर एक सभा आपयली. माकडान बेंभरीन उडक्यो मारून सगळ्यांचें मन धादोस केलें. ते खातीर सगळ्यांनी मतां ताकाच घालून राजा केलो. हाच्यान कोल्याक मात माकडाक राजाचें स्थान दिल्लें मानवलें ना. ताका माकडाची दुस्मानकाय जाली. ते खातीर ताच्या मनांत वायट चिंतप येवंक लागलें.

एक दीस आपलें खाण सोदीत सोदीत कोल्हो रानांत भोंवतालो. थंय एका मनशान जाळें घाला तें ताणें पळयलें. कोल्हो धूर्त आशिल्ल्यान तो मनीस आपल्याक धरतलो हाची ताका जाणविकाय जाली. ताणें जाळ्यांत दवरिल्ल्या मासाच्या कुडक्याक तोंड लायलें ना. माकोडु तितलो धूर्त नाशिल्लो. हें कोल्याक खबर आशिल्लें. ते खातीर राजाक ताणें थंय आपयलो.

“राजा हांगा बरो मासाचो कुडको आसा. तुमचोंच मान म्हूण हांव ताका आफडूंक लेगीत ना. ते खातीर तुमी खावन ताचो आनंद घेयात.”

माकडान मास खावपा खातीर हात घालो आनी तो जाळ्यांत आडखळ्ळो. कोलो ताका पळोवन व्हडल्यान हांसूंक लागलो.

***

१८. दुयेंत हरण आनी ताचे इश्ट



एक हरण आशिल्लें. तें एक दीस दुयेंत पडलें. एक व्हडल्या तणाचे राशीचेर न्हिदलें. तोंडाक रूच नाशिल्ली म्हूण तें कांयच खायनाशिल्लें. ते खातीर दोन दिसां भितर तें खूब अशक्त जालें आनी ताका आपल्या आंगाचो भार लेगीत घेवंक जायनाशिल्लो.

हरण दुयेंत आसा आनी न्हिदलां म्हूण ताची सेवा करपाची सोडून बगळो आपल्या खूब इश्टांक घेवन ताचे भलायकेची वासपूस करपा खातीर आयलो. तागेले सगळे इश्ट तण खावपी जनावरां आशिल्ल्यान तांकां आयतेंच तण खावंक मेळ्ळें. हरणाक बाबड्याक एक तणाची काडी लेगीत उरली ना.

कांय दिसांनीं हरणाचें दुयेंस आपसूकच बरें जालें. तें बरें जालें तें पळोवन सगळे इश्ट थंयच्यान नाच्च जाले. पूण हरणाक उठून धांवपाची इतली शक्त नाशिल्ली.

हरणाच्या इश्टांनी थंयचें तण खावन उडयिल्ल्यान हरणाक धांवन वचून तण खावंक जालें ना. मागीर ताणें भुकेन जीव सोडलो. इश्टांनीं जर थंयचें तण खावन उडयिल्लें नाशिल्लें जाल्यार तें हरण बशिल्लेकडेन तण खावन जीवें उरतलें आशिल्लें.

* * *

११. मेंढर आनी सुणें



एका गावांत एक व्हडलो मेंढरांचो कळप आशिल्लो. ताका राखपाक राखण्यान एक सुणें दवरिल्लें. राखणो त्या सुण्याक वांगडाच घेवन भोंवतालो. मेंढरां चरतना सुणें ताका राखतालें.

दनपार जातकीच सदांच तो राखणो आपल्याक जेवण वाडून घेवन सुण्याकूय जेवण वाडटालो. हें सदांच एक मेंढरूं पळयतालें आनी चडट दिसून दोळ्यांतल्यान दुकां गळयतालें.

एक दीस राखणो सदांभशेन सुण्याक वांगडा घेवन जेवण वाडून जेवतालो. तेन्ना जुस्त ताका मेंढरान पळयलें. ताच्या म्हऱ्यान येवन म्हणूंक लागलें, "राजा, तुमी आमकां वागयतात तें बरें न्हय. तुवें आमकां सगळ्यांक सारकीच वागणूक दिवंक जाय."


"येऽऽ मेंढरा तूं कितें सांगूंक सोदता? कितें सांगूंक जाय तें नेमकें आनी समजपा सारकें सांग." अशें राखण्यान आवाज चडोवन म्हळें. मेंढरान दुकां गळयत म्हळें, "आमी तुका लोकर दितात ताचें स्वेटर करून तुमी शिंयाच्या दिसांनीं वापरतात. मेंढरांचीं पिलां लेगीत तुका दितात. तूं

आमकां कितें दिता? आमी हंवटेन तेवटेन भोंवन तण खातात. हेंऽ हेंऽ सुणें तर तुका कांयच दिना. इतलें आसून लेगीत तूं ताका मोगान जेवण दिता. ताची अपुरबाय करता.''

मेंढराचीं हीं उतरां सुण्यान आयकलीं आनी म्हळें, ''तूं म्हणटा तें खरें. पूण हांवें तुमची राखण केली ना जाल्यार तुमकां कोणूय मारून खातलो आशिल्लो.'' मेंढराक सुण्यान म्हणिल्लें खरें दिसलें आनी जाप काडिनासतना मुकाट्यान आपल्या कळपांत वचून तण खावंक गुल्ल जालें.

***

२०. शेतकार आनी आंब्याचें झाड



एक शेतकार आशिल्लो. तागेली विंगड विंगड फळांची बाग आशिल्ली. तातूंतलें आंब्याचें झाड मात कांयच फळां दिनाशिल्लें. पूण शेवणीं मात थंय उमेदीन गायतालीं. तांचें तें आंब्याचें झाड म्हळ्यार एक व्हडलो घोंटेर कसो आशिल्लो. त्या आंब्याच्या झाडाचीं पानां पडून कोयर मात जातालो. हाची खुब शेतकाराक मदत जाताली. ताका नाशिल्लें वस्त दवरून तरी किंतें फायदो आसा म्हूण तें आंब्याचें झाड मारपाचें थारायलें आनी तो कुराड घेवन मारपाच्या हेतानच थंय आयलो.

त्या झाडार राबितो करून आशिल्ल्या शेवण्यांक शेतकार झाड मारूंक येता म्हूण कळ्ळें आनी सगळीं शेवणीं आकांतान रडूंक लागलीं. शेतकाराच्या म्हऱ्यांत येवन ताका पांयां पडूंक लागलीं. "आमचेर उपकार कर हें झाड मारून उडोवं नाका. तुवें हें झाड मारून उडयल्यार आमकां दुसरेकडेन आश्रय सोदचो पडटलो. शेतकारा, एक सांग तूं आमच्या मधूर सुरान उमेदीन हांगा काम करना तर!"

शेतकारान तांगेलों उतरां कानामनार घेनासतना आपले कुराडीन झाड मारपाक सुरवात केली. कांय घाव झाडाचेर घालतां घालतां अकस्मात

ताणें झाडाचे खांदयंक एक व्हडलें म्होंवा मुसांचें पोळें पळयलें. शेतकाराक तें पोळें पळोवन खूब उमेद जाली. हातांतली कुराड शेवटून उडयली. मनांतल्या मनांत म्हणूंक लागलो. 'हें झाड खऱ्यानीच दवरल्यार बरें. हाका हांवें मारून उडोवप समा न्हय.' शेवण्यांक कळ्ळें, शेतकार झाड मारून उडयना म्हूण आनी तीं शेवणीं उमेदीन नाचपाक आनी गावपाक लागलीं.

***

२१. मनीस आनी शींव

एक गांव आशिल्लो. थंय एक मनीस आनी एक शींव वांगडाच भोंवताले. भोंवतां भोंवतां बेजार येता म्हूण वेळ वचपा खातीर ते एकमेकांकडेन उलयताले. कांय वेळ ते एकमेकां वांगडा उमेदीन उलयले. मागीर दोगूय आपली शक्त आनी सामर्थ्याचें समर्थन करूंक लागले. मागीर आपूण तुजे परस चड हुशार म्हूण सांगूंक सुरवात केली. रोखडोच हाचो परिणाम म्हळ्यार तूं हांव करून प्रकरण मारामारी मेरेन पावलें.

सुदैवान चलतां चलतां ते एके आडवाटेन एका सुंदर पुतळ्या म्हऱ्यांत पावले. त्या पुतळ्यांत एक मनीस भिना आसतना मरणाक तयार जावन शींवाकडेन झगडटालो आनी शेवटाक शींवाक ताणें आपल्या पांयापोंदा उडयलो तें दिसतालें.


त्या मनशान म्हळें, ''थंय पळय! हांवें सांगिल्लें न्हय तुका तें खरें आसा पळय. हो पुतळोच तुका सिध्द करून दाखयता.''

शींवान म्हळें, ''तें तुगेल्या नदरेंतल्यान खरें आसा. तशें जाल्यार आमी सगळ्या शींवानी मेळून मूर्त हुमटिल्यार शींवाच्या पंज्या सकयल मनीस पडपा सारकें आमच्यांनी करूं येता.''

त्या मनशाक कितें जाप दिवची हेंच कळ्ळें ना आनी तो ओग्गी रावलो.

***

२२. म्हॉवामूस आनी पारवो



न्हंयचे देगेर एक व्हडलें झाड आशिल्लें. त्या झाडाचेर म्हॉवामुसांचें पोळें आशिल्लें. तें म्हॉवामुसांनी व्हडा उमेदीन आनी कश्टान बांदिल्लें. म्हॉवामुसांचें काम कितें तें सगळ्यांक खबर आसाच. तें दिसभर म्हॉंव एकठांय करपाचें काम करतात.

एक दीस एका म्हॉवामुसाक जोर आयलो आनी तो काम सोडून उदक पियेंक न्हंयचे देगेर गेलो. तो उदक पियेवपाचो यत्न करतनाच उदकाच्या नेटान व्हांवन वचूंक लागलो.

अकस्मात न्हंयचे देगेर बशिल्ल्या पारव्यान ताका व्हांवन वचतना पळयलो. पारव्यान आनी कळाव केलो ना. ताणें एक व्हडलें पान तोडलें आनी म्हॉवामुसा म्हऱ्यांत व्हरून ल्हवूच उडयलें. म्हॉवामूस त्या दवरिल्ल्या पानाचेर चडलो आनी पाखां सुकतकीच उडून गेलो.

कांय दिसांनीं पारव्याक एका वायट प्रसंगाक तोंड दिवचें पडलें. एकलो शिकार करपा खातीर हेवटेन तेवटेन भोंवतालो. तेन्ना ताचें लक्ष झाडाचेर बशिल्ल्या पारव्याकडेन गेलें. ताणें रोखडोच आपल्या बाणांचो

नेम त्या पारव्याचेर दवरलो. तेन्ना अकस्मात पारव्याक उडून वचचें दिसलें जाल्यार ताणें घोण आपले भोंवतणी हेवटेन तेवटेन पासयो मारता तें पळयलें.

म्होंवाचो मूस म्होंव सोदपा खातीर पासयो मारतना ताका कळ्ळें आपल्याक वाचयिल्लो तो होच पारवो आतां संकटांत आसा. तें पळोवन ताणें आनी कळाव केलो ना कास करपाक आयिल्ल्या त्या मनशाच्या उजव्या हाताकूच वचून घांस मारलो. घांस मारतकीच ताच्या बाणाचो नेम चुकलो आनी तो घोंणीक वचून लागलो. घोंण थंयच मरून पडली. ती मेली हें कळटकीच जीव आसल्यार भीक मागून खायन म्हूण मरणाच्या भंयान पारवो थंयच्यान गेलो.

***

२३. कोल्हो आनी रानडुकर



एक कोल्हो आशिल्लो. तो आपलें [illegible] सोदत [illegible] रानांत तेवटेन तेवटेन भोंवतालो. अकस्मात ताणें एका रानडुकराक पळयलो. तो आपले दांत झाडाच्या कांडाक घासतात गुल्ल आशिल्लो.

कोल्यान शिटूकमागान भायलणीं पळयलें. ना ह्या रानडुकराक आताव जाल्ल्याचीं कांयच चिन्नां दिसनाशिल्लीं. रानडुकर अशें कित्याक करता हें कोल्याक आपली बुद वापरून लेगीत कायच कळ्ळें ना.

जण एकल्याक कसलीय गजाल जाणून घेवपाची इत्सा आसता, तशी कोल्याकूय इत्सा जाली आनी तो रानडुकरा म्हऱ्यान गेलो. कोल्यान म्हळें, "आरे इश्टा तूं अशें कित्याक करता? आतां वाघूक तांडेकार कोण हांगा आयलो ना. तुका भंय कित्याक दिसता हें म्हाका अजून कळ्ळें ना."

रानदुकरान म्हळें, "तूं म्हणटा तें खरें इश्टा. पूण तान लागल्याकीच बांय खणप हें समा न्हय. दुस्मान आमच्या फाटीक लागता म्हणकेल्ल्या दाट रानांत आमीं रावतात. हांव केन्ना दुस्मानांचे तावडींत सांपडत आनी म्हज्या दातांचो उपेग केन्ना करचो पडत हें म्हाका कशें कळटलें? ते खातीर हांव दांतांक धार काडून दवरतां. कित्याक म्हळ्यार गरज पडटा तेन्ना हे दांत म्हाका उपेगी पडटले.

कोल्यान आनी वेळ केलो ना. हो आपल्या [illegible] बुद्वंत म्हूण थंयच्यान धांवन गेलो.

* * *

२४. पाडे नशिबाचो चामटो



एका गांवांत एक चामटो मनीस रावतालो. तो खूब गिरेस्त आशिल्लो. ताचेकडेन खूब भांगर आशिल्लें. इतलें भांगर घेवन कितें करतलो म्हूण ताणें तें सगळें भांगर मोडून ताचो व्हडलो गुळो केलो. घरा लागसारच फोंड काडून तातूंत तो भांगराचो गुळो दवरलो. वयल्यान माती घालून जमनी बरोबर केलो. कळूंक जाय म्हूण ताणें कुरवेक ताचेर एक फातर दवरलो. आतां आपलें भांगर सुरक्षीत आसा म्हूण ताका खूब आनंद जालो. तरीकूय ताका भांगराचो विचार येत रावतालो. हेवटेन तेवटेन कोण ना तें पळोवन तो भांगराचो गुळो भायर काडून पळयतालो.

त्या चामटच्या मनशाचो एक इश्ट आशिल्लो तो आपल्या जनेलांतल्यान हें ताचें नाटक सदांच पळयतालो. ते खातीर ताका तागेल्या भांगराचें गुपीत कळ्ळें. त्या इश्टाक रातची कशीच न्हीद पडना जाली आनी ताका परतो परतो तो भांगराचो गुळो दोळ्यां मुखार येवंक लागलो. तो अकस्मात उठलो आनी हेवटेन तेवटेन पळयलें. सगळीं न्हिदल्यांत हें कळटकीच ताणें ल्हवूच दार काडलें आनी भांगर पुरोवन दवरिल्ल्या जाग्यार

वचून ताणें तो भांगराचो गुळो चोरलो. आसा तसो फोंड धांपलो. आपल्या हांतुणाचेर येवन न्हिदलो.

दुसरे दिसा तो चामटो मनीस आपलें भांगर पळोवपाक गेलो. पळयल्यार थंय तागेलो भांगराचो गुळो नाशिल्लो. तो खूब भिलो आनी हेवटेन तेवटेन पासयो मारून बोबाट मारूंक लागलो. ताची बोबाट आयकून ताच्या शेजरा रावतात ते लोक धांवन आयले आनी कितें जालें म्हूण ताका विचारूंक लागले.

'हांव फटवलों म्हजो भांगराचो लाडू चोरून व्हेलो.' अशें म्हणून तो चामटो मनीस परतो बोबाट मारूंक लागलो.

"आसूं रे कित्याक तूं इतलें मनाक लावन घेता? तुगेलें भांगर उपेग करिनासतना तशेंच पडून आशिल्लें. आतां तातूंत तुका इतलें वायट कित्याक दिसूंक जाय? तूं कितें कर, तुज्या समादाना खातीर हांगा भांगर आशिल्ल्या जाग्यार एक फातर घाल आनी सदांच येवन पळय. हेवटेन तेवटेन पासयो मार आनी व्हडा व्हडान रड." चामट्याक खूब वायट दिसलें. आपलीं फकाणां करतात म्हूण मागीर ताका कळ्ळें. आपणें भांगराचो उपेग केल्लो जाल्यार आपल्याक हो दीस पळोवंक मेळचो नाशिल्लो म्हूण माथ्यार हात घेवन रडूंक लागलो.

***



अलका सिनाय असोळडेकार

- ‘काव्यकुंज’ हो काव्यसंग्रह २००६ प्रकाशीत जालो.
- तशेंच एस. एल. भैरप्पांच्या ‘दाटू’ ह्या कन्नड कादंबरीचो कोंकणी अणकार ‘शीम हुपतना’ २००७ प्रकाशीत जालो.
- ‘पारजत’ हें ललित साहित्य सदर नित्त्यनेमान सुनापरान्तांत छापून आयलां.
- ‘खडीसाकर’ लेगीत सुनापरान्तांत छापून आयलां.
- ‘विष्णुपुराण’ ह्या मराठी पुस्तकाचो कोंकणी अणकार केला.

- कोंकणी कला साहित्य केंद्र, कुडचडें-गोंय. ह्या केंद्राचो अणकार पुरस्कार ‘शीम हुपतना’ कादंबरीक २००७ फावो जालो.
- केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो अणकार पुरस्कार २०१० ‘शीम हुपतना’ कादंबरीक फावो जालो.

बिम्ब
प्रकाशन